# बाल शौर्य पुरस्कारा खातीर अर्ज

ता. 10 सप्टेंबर 2020

नवी दिल्लीच्या भारतीय बाल कल्याण मंडळान बाल शौर्य पुरस्कारा खातीर अर्ज मागल्यात. धाडसी कामाखातीर मंडळा वतीन भुरग्यांक शौर्य पुरस्कार दितात. धाडसाचे काम केल्ल्या भुग्यांची दखल घेवप आनी धाडसाचे काम केल्ल्या भुरग्यां कडल्यान हेर भुरग्यांनी प्रेरणा घेवची ह्या उद्देशान हे पुरस्कांर दितात. आपलो जीव धोक्यात घालून दुसऱ्याचो जीव वाटावपा खातीर धाडसाचे काम केल्ल्या भुग्यांची ह्या पुरस्कारा खातीर निवड करतात.

नामांकनां विहीत अर्ज नमुन्यातल्यान स्विकारतले. अर्ज भारतीय बाल कल्याण मंडळाचे मुख्यालय वा मंडळाच्या संकेतथळावयल्यान मेळोवपाक जाता. अर्जाक अर्जदार शिकपी शाळेचे प्राचार्य/मुख्याद्यापक, पंचायत/जिल्हा परिशद मुखेली, राज्य बाल कल्याण मंडळाचे अध्यक्ष वा सचीव, जिल्हाधिकारी, समान श्रेणीतलो सरकारी अधिकारी, पुलीस अधिक्षक वा वयल्या श्रेणीतलो पुलीस अधिकारी हांचे मदल्या दोगां जाणांची शिफारस आसपाक जाय.अर्जा वांगडा सुमार 250 उतरांनी बरयिल्लो धाडसी घडणूकेचो तपशील जोडपाक जाय. तशेंच जल्म दाखलो, बातमीपत्र वा दिसाळ्यातले कात्रण, पुलीस स्टेशनार नोंद जाल्लो एफआयआर आनी हेर दाखल्यांचेर पात्र अधिकारीणीन सय करपाक जाय.

2020 वर्साच्या पुरस्कारा खातीर धाडसाची घडणूक घडिल्ल्या दिसा भुरग्याची पिराय 6 वर्सा सकयल आनी 18 वर्सा वयर आसपाक जायना आनी घडणूक 1 जुलय 2019 आनी 30 सप्टेंबर 2020 मजगती घडिल्ली आसपाक जाय.

पदक (भांगर, रौप्य ), प्रशस्तीपत्र आनी रोख अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. भारत पुरस्कार 1 लाख रूपया रोख, ध्रुव पुरस्कार 75 हजार रूपया रोख, मार्कंडेय पुरस्कार 75 हजार रूपया रोख, श्रावण पुरस्कार 75 हजार रूपया रोख, प्रल्हाद पुरस्कार 75 हजार रूपया रोख, एकलव्य पुरस्कार 75 हजार रूपया रोख, अभिमन्यू पुरस्कार 75 हजार रूपया रोख आनी सर्वसामान्य पुरस्कार 40 हजार रूपया रोख अशें वट्ट 25 पुरस्कार दितात. हे पुरस्कार नवी दिल्लीत जावपी खास सुवाळ्यात भेटयतात.

पात्र पुरस्कार जैतवंताक ताचे शिक्षण पुर्ण जाय मेरेन आर्थिक मदत दितात.

अर्ज आनी चड म्हायती खातीर बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय, पणजी हांगा 2235308/2426112 ह्या फोन नंबरा वयल्यान संपर्क करचो वा www.iccw.co.in ह्या संकेतथळार भेट दिवची.

अर्ज तारीख 21 सप्टेंबर 2020 मेरेन सॉफ्ट कॉपी ( सीडी/पॅनड्रायव्ह ) आनी हार्ड कॉपी वरवीं सुपूर्द करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/454

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA